# प्रादेशिक खबरो
## १२.०८.२०२५ @ ७.20 pm

- अपघात जावपी black spot ना करपाच्या हेतान येरादारी खाते काम करता अशे येरादारी मंत्री माविन गुदिन्हो हानी सांगला
- पुलिस कोन्सेटबल हो पुलिस सेवेतलो मुळावो घटक, तांच्या प्रशिक्षणातल्यान गोंयची न्यायवेवस्था आनीक घटमुट जातली असो विस्वास मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हानी उक्तायला
- म्हादय लवादाक आता मेळया एका वर्साची मुजतवाड
- हर घर तिरंगा मोहीमेखाला आयज मडगावात दोन कार्यावळी जाल्यो.
- फुडलो सप्तक भर काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला

<u>रश्मी</u>

गोंय हे आता accident capital जाला अशे आयकुपाक येता, गोंयात रस्तो अपघातांचे प्रमाण वाडला, ताका लागुन ह्या प्रस्नाचेंर उपाय काडपाच्या हेतान सरकारान पावला मारपाक सुरुवात केल्यात अशी म्हायती येरादारी मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी दिली. ते पर्वरे मंत्रालयात रस्तो सुरक्षा समितीच्या बसके उपरांत घेतिल्लया पत्रकार परीशदेत उलयताले. ही बसका दर ६ मह्यान्यांनी जाता. अपघात जावपी black spot ना करपाच्या हेतान येरादारी खाते काम करता, अशे ८०टक्के black spot सारखे करपाक येरादारी खात्याक येस आयला , रस्त्याच्या अशा अपघाती सुवातीचे काम करपाखातीर येरादारी खात्याक खासा निधी मेळ्ळा ,ह्या निधीतल्यान अपघात जावपी रस्त्यचांर तकटे लावप, तशेचं राज्यभरात AI based traffic signal यंत्रणा उबारपाविंशी काम सुरु जाला अशी म्हायती मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी दिला. हे काम ६-८ म्हयन्या भितर सुरु जातले. हातुतल्यान येरादारी कोयंडीचो प्रस्न सुटावो जातलो अशे मंत्री माविन गुदिन्हो हांनी म्हणला.

रस्तो सुरक्षा सप्तका मजगती दोनुय जिल्होधिकाऱ्यांनी रस्तो सुरक्षा सप्तकाची कार्यावळी आयोजित करच्यो. हे शिवाय पंचायत, नगरपालिकानी लेगीत अश्यो कार्यावली आयोजित करचे अशे माविन गुदिन्हो हांणी म्हणला

पुलिस अकादमीत प्रशिक्षण घेतिल्या गोंयच्या IRB पुलिसांच्या तुकडीची पासिंग आऊट परेड आयज जाली. फाटल्या १० म्हयन्यात गोंयच्या ७०० पुलिसांचे ह्या अकादमीत प्रशिक्षण जाला. हांतुन ५६९ दादले आनी १३१ बांयला पुलिसांचो आसपाव आसा.ह्या गोंय पुलिशेच्या पासिंग आऊट परेडीच्या कार्यावळीक गोंयचे मुखेलमंत्री तशेंच गृहमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत,तशेंच आसामचे मुखेलमंत्री हिमांन्ता बिस्वा शर्मा, आसामचे शार उदरगत खात्याचे मंत्री अतुल बोरा, आसामची वित्त मंत्री आजंन्ता नेओग, आसामचे पुलिशेचे DGP हरमित सिंग, गोंय पुलिशेचे DGP आलोक कुमार तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्यावेळार मानेस्तांनी पुलिस परेडीचे निरीक्षण केले. ह्या वर्सा मणिपुरच्या २ हजार पुलिसांक लचित बरफूकन पुलिस अकादमीन प्रशिक्षण दिला. जाल्यार मणिपुरच्या पुलिशे उपरांत आता गोंयच्या ७०० पुलिसांक प्रशिक्षण दिला.देशातल्या वेगेवेगळया राज्यातल्या पुलिसांक प्रशिक्षणा सयत आता भुतान देशाच्य सरकारान लेगीत आसामच्या ह्या पुलिस अकादमीन भुतानच्या पुलिसांक प्रशिक्षण दिवची अशी मागणी केल्या अशी म्हायती आसाम पुलिशेचे DGP हरमित सिंग, हांणी दिली.जाल्यार गोंय राज्य आनी आसाम राज्य भौगोलिक रित्या पयस आसात, गोंय सराकरान आसामच्या पुलिस अकादमीत गोंय पुलिशेक प्रशिक्षण दिवपाक धाडील्यान आसामचे मुखेलमंत्री हिमांन्ता बिस्वा शर्मा हांणी गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचे उपकार मानल्यात. गोंय राज्यासयत देशाच्या सेवेत ह्या पुलिशेन सदाच तत्पर रावचे अशे आवाहन तांणी ह्यावेळार नव्या प्रशिक्षित जाल्या पुलिसांक केला.

गोंयचे मुखेलमंत्री तशेंच गृहमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी विकसित भारतावांगडा विकसित गोंय करतना पुलिसांची सेवा नागरीकांक न्याय दिवपाच्या नदरेतल्यान महत्वाची आसा अशे म्हणला. गोंय सुरक्षित, पाचवेचार, स्वच्छ,दवरपाची मोख राज्य सराकरान दवरला. पुलिस कोन्सेटबल हो पुलिस सेवेतलो मुळावो घटक, तुमच्या प्रशिक्षणातल्यान गोंयची न्यायवेवस्था आनीक घटमुट जातली असो विस्वास ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान व्यक्त केला.

गोंय, महाराष्ट्र आनी कर्नाटक या तीन राज्यामदलो म्हादय उदकाचो वाद सुटावो जावपा खातीर स्थापन जाल्या म्हादय लवादाक आता एका वर्साची मुजतवाड मेळया. हे विशीची अधिसूचोवणी केंद्रान जारी केल्या. 16 ऑगस्ट 2026 मेरेन आता मुजतवाड दिल्या. गोंय, महाराष्ट्र आनी कर्नाटक ह्या तीन राज्यामदलो उदकाचो वाद सुटावो जावपा खातीर नोव्हेंबर 2010 वर्सा म्हादय लवादाची स्थापना केल्ली. आंतरराज्य उदका वाद कायदो 1956 खाला

म्हादय लवादाची स्थापना जाल्ली. 15 नोव्हेंबर 2013 मेरेन लवादाक निवाडो दिवपाचो आशिल्लो. हे मुजतीत निवाडो दिवप शक्य जावंक नाशिल्ले कारणान लवादाक मुजतवाड मेळात रावली. आता 16 ऑगस्ट 2026 मेरेन म्हादय लवादाची मुजत आसा.

गोय प्रदेश काँग्रेस समितीन आयज कॉग्रेस हावसांकडल्यान पणजे आल्तिन्हो गोंय मुखेल वेंचणूक कार्यालयांत धडक मोर्चा वरपाक यत्न केलो. मात पुलिशेन तांका अझाद मैदानाकडे आडयले आनी उपरांत ताब्यात घेतले. मतदान वळेरीत गुड्डुलासांव जाता असो आरोप करीत कॉग्रेसीन आयज हो धडक मोर्चा काडीलो. कॉग्रेसीन काल दिल्लीत बोगस मतदार आनी मतदार वळेरीत फेरफार आशिल्याचो आरोप केल्लो. बोगस मतदारांक मतदार वळेरीत घुसोवपाची प्रकरणा गोंयांतुय जाल्यात असो आरोप करीत ह्या मोर्चान आयज गोंयात नेट धरील्लो. विरोधी पक्षाचे फुडारी राहुल गांधी आनी प्रदेश अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे सयत विरोधी खासदारांनी सोमारा काडील्या निशेध मोर्चाक पुलिसांनी आडायल्या घडणुकीचो निशेध करपाच्या हेतान आयज गोंय कॉग्रेस समितीन लेगीत गोंयच्या मुखेल वेंचणुक आयोगाच्या कार्यालयाचेंर मोर्च व्हरपाचे केल्लो. फाटल्या २ म्हयन्यासांवन गोंय मुखेल वेंचणुक आयुक्त सरकारान नेमुंक नाशिल्लो . मात काल रातयाभितर संजय गोयल हांका अचकीत मुखेल वेंचणुक आयुक्त नेमपाचो आदेश भारतीय वेंचणुक आयोगान कसो किते काडलो असो प्रस्न ह्यावेळार गोंय कॉग्रेस प्रदेश अध्यक्ष अमित पाटकार हांणी केला. ह्या मोर्चात विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव , आमदार एल्टन डीकोस्टा, कॉग्रेस महिला मोर्चाची अध्यक्ष प्रतिक्षा खलप,तशेंच कॉग्रेसीचे हेर कार्यकर्ते व्हडा आकड्यान हजर आशिल्ले. उपरांत ताब्यात घेतिल्लया कॉग्रेसीच्या ह्या फुडाऱ्यांक जामीनाचेंर सोडले.

हर घर तिरंगा मोहीमेखाला आयज मडगावात दोन कार्यावळी जाल्यो. पयल्या कार्यावळीत मडगाव पालिकेन मडगावच्या पॉप्युलर विद्यालयाच्या विद्यार्थ्यांवांगडा मडगावात प्रभातफेरी आयोजीत केली. जाल्यार दुसरी कार्यावळ मडगावच्या रवीन्द्र भवनात जाली. तातूंत मडगावच्या पाच विद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यांनी देशभक्ती गीतां सादर केली.
मडगाव पालिकेन आयोजित केल्ल्या प्रभात फेरयेत विद्यार्थ्यांनी जय हिंद, भारत माता की जय अशा घोशणा दीत मडगावच्या पालिका उद्यानाक फेरी मारली. ह्यावेळार 'से नो टू प्लॅस्टीक' अश्योय घोशणा विद्यार्थ्यांनी दिल्यो. विद्यार्थ्यांक देशाच्या स्वातंत्र्याची म्हायती मेळची आनी तांचेमदी देशप्रेम निर्माण जावचे हे खातीर ही प्रभात फेरी घडोवन हाडिल्ली

अशें मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हांणी सांगलें. उपरांत मडगावच्या महिला नूतन ह्या शाळेत चित्रकला सर्तीचे आयोजन केल्ले.
मडगावच्या रवीन्द्र भवनान ह्या निमतान आयज देशभक्ती पंगड गीतगायन कार्यावळ जाली. भाटीकार मॉडेल हायस्कूल, न्यू इरा हायस्कूल, पॉप्युलर हायस्कूल आनी डॉ. के. ब. हेडगेवार विद्यालय ह्या मडगावातल्या तर वेर्णा हांगाच्या म्हालसा नारायणा विद्यालयाच्या विद्यार्थ्यांनी ह्यावेळार देशभक्ती गीतां सादर केली.

गोंयचे पयले मुखेलमंत्री भाऊसाहेब उर्फ दयानंद बांदोडकार हांची आयज 52 वी पुण्यतीथ .हे फांटभुयेंर आयज पणजे तांच्या पुतळयाक मानेसतानी आर्गा ओपली. पणजे मिरामार हांगा भाऊसाहेब बांदोडकार हांच्या समाधीचे सुरु आशिल्ले काम ह्या वर्सात पुराय जातले अशी म्हायती ह्यावेळार सुदिन ढवळीकार हांणी दिल्या. मगोचे फुडारी आनी गोंय राज्याची वीज मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी भाऊसाहेब बांदोडकार हे गोंयच्या सर्वांगिण उदरगतीचे खरे शिल्पकार अशे तांच्यां पुतळयाक आर्गा ओपल्या उपरांत पत्रकारांक प्रतिक्रिया दितना म्हणला. शिक्षण, वेवसायकीक म्हाविद्यालया, उदकाचे धरण , कला अकादमी, गोंयची उदेदेग क्षेत्र तशेंच हेर मळार भाऊसाबेब बांदोडकार हांणी केल्ले काम महत्वाचे आसा. गोंय प्रगतीचो खरो बुनयादी फातर तांणी घालो अशे मत ह्यावेळार सुदिन ढवळीकार हांणी व्यक्त केले .

गोंय भाजपा प्रदेशाध्यक्ष दामू नायक हांणी आयज दिल्लींत राष्ट्रीय सरचिटणीस बी. एल. संतोष हांची भेट घेतली. पक्षाच्यो येवपी कार्यावळी आनी संघटने संबंदी चर्चा जाल्ल्याची म्हायती दामू नायक हांणी दिली.मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आयज सांज मेरेन आसामांतल्यान दिल्ली वतले. दिल्लींत वेगवेगळया फुडाऱ्यांक मेळून वेगवेगळया विशयांचेर चर्चा करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यानी दिली. प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक हांणी पक्षाचे फुडारी आनी खासदार अरुण सिंग आनी कार्यालयाचे सचीव अरुण पांडे हांची भेट घेतली. येत्या दिसांनी गोंयांत प्रदेश संघटनात्मक कार्यशाळा जातली. हे कार्यशाळे वांगडाच तांणी संघटनेच्या वावराविशी भासाभास केली.

..फातोर्डाच्या पं. जवाहरलाल नेहरू स्टेडिएमार फाल्या AFC चाम्पियन लिगाच्यो दोन फुटबॉल मॅचीं जातल्यो.

.. खेळ आनी  युवा व्यवहार संचालनालयावतीन घेतील्या काणकोण तालुका पातळीवेल्या बॅडमिंटन स्पर्धेत बलराम निवासी विद्यालयान १४ वर्षांसकयल्या  गटात विजेतेपद पटकायले. ताणी  तुडल हय्स्कुलाक  २-१ फरकान हरायले

.. खेळ आनी  युवा व्यवहार संचालनालयावतीन घेतील्या केपे तालुका आंतरशालेय बॅडमिंटन स्पर्धेत कुडचडेच्या सर्वोदय एज्युकेशनल सोसायटी स्कूल व केपेच्या पोप जॉन हायस्कूलन विजेतेपद पटकायले

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 29.२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४.४  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फाटल्या २४ वरात पावसाची नोंद 6.5 मीली मीटर जाल्या फुडलो सप्तक भर काय वाठरांनी व्हडा  प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला